Akashvani Panaji national bulletin 25th December 2025 8.40 am

मुखेल खबरो

* आयज संवसारभर नाताळ मनयतात

* आयज आदले प्रधानमंत्री भारत रत्न अटल बिहारी वाजपेयी हांच्या 101 वर्सा जयंती निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी लखनौक भेट दितले.

* नवी दिल्लींतल्या अटल स्मृति न्यास सोसायटीचे अध्यक्ष म्हणून आदले उप्राष्ट्रपती वेंकैया नायडू वेंचून आयले.

* कुशळटाय विकास आनी उद्देजकता मंत्री जयंत चौधरी हांणी सरकार, उद्देग, शिक्षणीक आनी प्रशिक्षण संस्थां मदीं कृत्तीम बुद्धिमतेचे क्षमता तयार करपाचेर भर दिला.

आता पुराय खबरो

व्हीपी 90

देश पारदर्शकता, कार्यक्षमता आणि समावेशन हाचेर लक्ष केंद्रित करपी संरचनात्मक सुधारणांकडे निर्णायकपणान मुखार गेला अशे उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन यांनी म्हणला.' ' आज नवी दिल्लीत व्हाइस-प्रेसिडेंट्स एन्क्लेव्ह हांगा डॉ. सिकंदर कुमार हांणी बरयील्या 'इकॉनॉमिक एम्पॉवरमेंट ऑफ इंडिया इन द मोदी एरा' या पुस्तकाचे प्रकाशन केल्या उपरांत राधाकृष्णन उलयताले. फाटल्या दसकात, प्रधान नरेंद्र मोदीच्या फुडारपणाखाला, भारतान उल्लेखनीय आर्थिक परिवर्तनाचो आणि नव्या आत्मविश्वासाचो काळ पळयला अशे तांणी म्हळे. आज भारत जगातली चौथी सगळ्यात व्हड अर्थव्यवस्था जायत आसा आणि तिसरी सगळ्यात व्हड अर्थव्यवस्था जावपाच्या दिशेन वाटचाल करता अशे ताणी म्हळे(बाइट - सी. पी. राधाकृष्णन)

यादव ७०

काय राजकीय पक्ष, विशेषतः काँग्रेस, सर्वोच्च न्यायालयाच्या अरवली टेकड्यांवेल्या निकालाबाबत चुकीची माहिती पसरयता अशे केंद्रीय पर्यावरण, रान आणि हवामान बदल मंत्री भूपेंद्र यादव यांनी म्हणाला.ते सर्वोच्च न्यायालयाच्या निकालाचो जाणूनबुजून चुकीचो अर्थ लायता आणि स्वतःचे हितसंबंध पूराय करपाक ताचो राजकीय साधन म्हणून वापर करतात. आकाशवाणी न्यूजक दिल्या विशेष मुलाखतीत, यादव हाणी म्हणाले की, विरोधकांकड च्यान पारळपी प्रचाराक नागरिक बळी पडचे ना. (बाइट: भूपेंद्र केले.

RASHMI 146

आयज संवसारभर नाताळ मनयतात. संवसारभर किरिस्तांव भावंडा जेजू क्रिस्ताचो जल्म निमतान नाताळ मनयतात. ह्या निमतान लोक नाताळाचें झाड, नखेत्र, घरां सजयतात. सगळ्या इगर्जांनी नाताळाच्यो खाशेल्यो सेवा आनी कार्यावळी घडोवन हाडटात. आर्चबिशपान फीलीप नेरी फेर्राव हांणी गोंयकारांक नातलाची परबी भेटयतना लोकांक अस्वस्थ संवसारांत शांतताय, जुलूमींक न्याय आनी कुटुंबांक, शेजाराक आनी गरजेवंतांक भावपणाची आनी मोगान आनी एकामकाक आदार दीवपाचो संदेश दीला.इतिहासीक इगर्जी सावन दरेक घरा मेरेन गोंय परंपरा आनी आधुनिकतेचो जीवंत भरसण मनयता. राज्यपाल पुसाती अशोक गजपति राजू, मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत आनी आर्चबिशप फिलीप नेरी कार्डिनल फेराओ हांणी राज्याचें खाशेलें समाजीक घटमूट करपा खातीर एकचाराची उलो मारून उमेदीन परबीं दिल्या. उत्सव विकसीत जातात- डिजिटल अभिवादन आनी आधुनीक सजावट-फेस्टाचें काळीज उरलां. धर्म आनी जात हांच्या आडमेळ्यांक आडखळून बेबिंका आनी डोडोल ह्या पारंपारीक खाणां-जेवणांचेर कुटुंबां जमतात. मुख्यमंत्र्यान नोंद केल्ले प्रमाण गोंय शांतीपूर्ण जिणेचें आदर्श उरलां, समावेश ही आमची सगळ्यांत व्हडली तांक ही आयज आमकां याद करून दिता अशे ताणी म्हणाला .

Pm 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी लखनौक भेट दितले, आयज आदले प्रधानमंत्री भारत रत्न अटल बिहारी वाजपेयी हांच्या 101 वर्सां जयंती निमतान. प्रधानमंत्री राष्ट्र प्रेरणा स्थानाचें उक्तावण करतले आनी हे निमतान भौशीक मेळाव्यातय उलोवप करतले. स्वतंत्र भारताच्या दिग्गजांच्या दायजाचो भोवमान करपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या दृश्टीकोनाक  चालना दिवन राष्ट्र प्रेरणा स्थान भारताच्या एका पूज्य राज्यकर्त्याच्या जिविताक, आदर्शांक आनी टिकपी दायजाक श्रद्धांजली दितली, जाच्या फुडारपणान राष्ट्राच्या लोकशाय, राजकी आनी उदरगतीच्या प्रवासाचेर खोलायेन परिणाम केलो.

76 naidu

नवी दिल्लींतल्या अटल स्मृति न्यास सोसायटीचे अध्यक्ष म्हणून आदले उप्राष्ट्पती वेंकैया नायडू वेंचून आयले. अटल स्मृति न्यास सोसायटीचे संस्थापक वांगडी रामबहादुर राय हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सयत हेर वांगड्यां कडेन सल्लो घेवन ह्या पदाचेर नायडूचें नांव प्रस्तावीत केलें. m  वेंकैया नायडूच्या अधिकृत निवासस्थानी जाल्ले बसकेंत अटल स्मृति न्यास सोसायटीन ताका सोसायटीचो अध्यक्ष म्हूण वेंचून काडलो. तशेंच नायडू अध्यक्ष म्हूण हेरांचो सल्लो घेतलो आनी शासन मंडळाचे वांगडी, आनी न्यासांचे वेव्हार वेवस्थापन करपाखातीर कार्यकारी समिती तयार करपाचे थारायलें.

Jayant 172

कुशळटाय विकास आनी उद्देजकता मंत्री जयंत चौधरी हांणी सरकार, उद्देग, शिक्षणीक आनी प्रशिक्षण संस्थां मदीं कृत्तीम बुद्धिमतेचे  क्षमता तयार करपाचेर भर

दिला. नवी दिल्लींत स्किलिंग फॉर एआयचेर बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळून चौधरी हांणी शिक्षण, वेवसायीक प्रशिक्षण आनी कामगार बळग्यांत एआय कौशल्यांचो आस्पाव करून सरकार एआय सक्षम जागतीक अर्थवेवस्थेंत विकसित भारताची बुन्याद घालता अशे सांगले . हे बसकेंत तांणी इंडिया एआय मिशनाच्या फ्युचरस्किल्स खांब्याचो आनी पीएमकेव्हीवाय 4.0 खाला एआय कॅरियर्स फॉर वुमेन आनी एआय प्रशिक्षण सयत हेर मुखेल उपक्रमांचो नियाळ घेतलो. कुशळटाय उदरगत आनी उद्देजकता मंत्रालयान निवेदनांत , चर्चांनी पुराय कामगार बळांत सतत अपस्किलिंग आनी रिस्किलिंगाचे म्हत्व स्पश्ट केलां. संशोधन आनी अभियांत्रिकी ते भलायकी जतनाय, उत्पादन, सेवा आनी शासनांतल्या क्षेत्र-विशिश्ट अनुप्रयोगां मेरेन, एआय मोल साखळींतल्यान प्रतिभेची उदरगत करपाचेर भर दिलो, तेच बरोबर जबाबदार आनी नैतीक एआय वापराचीं तत्वां पाळ्ळीं. सद्याच्या वेवसायीक अभ्यासक्रमांत मुळाव्या एआय मॉड्यूलांचें एकीकरण करप, संस्थांची मुळावी बांदावळ घटमूट करप, सुरवातीच्या पांवड्यावेल्यान एआय साक्षरतायेच्या उपक्रमांचो विस्तार करप, उद्देगीक भागीदारी खोलायेन करप, आनी नियामक चपळाय सुनिश्चीत करप हांचो आस्पाव आसा अशें मंत्रालयान जोडलां. सध्याच्या उपक्रमांक व्हड पांवड्यार व्हरपाक ह्या विचारविनिमयांत म्हत्वाचें पावल थारलें.

UsIn 70

अमेरिकेंतले भारताचे राजदूत विनय मोहन क्वात्रा हांणी वेपारी संबंद घटमूट करपाच्या ध्येया विशीं फ्लोरिडाक भारतांतलो अमेरिकेचो राजदूत सर्जियो गोर हांचे कडेन उलोवणी केली. ही बसका फ्लोरिडा हांगाच्या अमेरिकेचो राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांच्या निवासस्थानी मार-अ-लागो हांगा जाली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत क्वात्रा हांणी भारतांतलो अमेरिकेचो राजदूत म्हूण आपली जापसालदारकी घेवपाची तयारी करतना अमेरिकेच्या राजदूतान द्विपक्षीय भागीदारी खातीर आपली येवजण आनी प्राधान्यां सांगल्यात अशे सांगलें . हाचे आदीं अमेरिकेच्या राजदूतान

सोशल मिडियाचेर पोस्टांत  ही भारतीय राजदूताची मार आ लागोची पयली भेट अशे सांगिल्ले.

MP 100

राज्य पांवड्यावेली अभ्युदय मध्य प्रदेश वाड शिखर परिशद - रोजगारांत गुंतवणूक आयज, ग्वालियरांतल्या मेला मैदानाचेर जाता. केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह आनी मुख्यमंत्री मोहन यादव हांच्या हाजिरेंत 2 लाख कोटी रुपयां परस चड गुंतवणूक प्रस्तावां खातीर जमीन दितले, जाल्यार 10 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या उद्देगीक प्रकल्पांचें उक्तावण जातलें. आदले प्रधानमंत्री अटल बिहारी वाजपेयी हांच्या जल्मदिसा आयोजीत केल्ल्या ह्या शिखर सभेंत गुंतवणूक फुडारपणा खाला रोजगार दिवपा खातीर राज्याची वचनबद्धताय उक्तायल्या. काल सांजवेळार जाहीर केल्ल्या व्हिडियो संदेशांत मुख्यमंत्री DR मोहन यादव हांणी , मध्य प्रदेश उद्देगीक गुंतवणूक स्थिरपणान नोकऱ्यांनी रुपांतरीत करता आनी ह्या शिखर सभेंत राज्य उदरगतीच्या नव्या उंचाये कडेन व्हरतलें अशे सांगले

Telangana 160

तेलंगणात जायत्या वेपारी आनी उद्देगीक संस्थांनी हालींच्या धोरणात्मक आनी नियामक घडामोडीं विशीं हुस्को उक्तायला आनी  आडमेळीं येवंक शकतात अशी शिटकावणी दिल्या. वीज दराचे नेम, नवीकरणीय उर्जा मंजुरी ना आनी हैदराबाद उद्देगीक जमनी रुपांतर धोरण (एचआयएलटीपी) खाला सरकारी आदेश  चालीक लावप हांचो आस्पाव आशिल्ल्या ह्या तात्पुरत्या प्रस्नांचेर परतून विचार करचो अशें तांणी राज्य सरकाराक सांगलां

tn

तमिळनाडू रान खात्यान 2025-2026 वर्सा खातीर समन्वयीत सुकण्यांची जनगणना करपाचो प्रस्ताव मांडला,  ह्या व्यायामांत ओलसाणीच्या वाठारांतल्या सुकण्यांची जनगणना, भितरल्या आनी दर्यादेगेवेल्या दोनूय ओलसाणीच्या वाठारांचो आस्पाव जातली आनी भूंयगत सुकण्यांची जनगणना आसतली.

award

दोन फावटीं ऑलिंपिक पदक विजेतो आनी भारतीय दादल्यांच्या हॉकी पंगडाचो उपकप्तान हार्दिक सिंगाक प्रतिश्ठीत मेजर ध्यान चंद खेल रत्ना खातीर नामांकन मेळ्ळा.

परतून एक फावट आयचो मुखेल खबरो

* आयज संवसारभर नाताळ मनयतात

* आयज आदले प्रधानमंत्री भारत रत्न अटल बिहारी वाजपेयी हांच्या 101 वर्सां जयंती निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी लखनौक भेट दितले.

* नवी दिल्लींतल्या अटल स्मृति न्यास सोसायटीचे अध्यक्ष म्हणून आदले उप्राष्ट्रपती वेंकैया नायडू वेंचून आयले.

* कुशळटाय विकास आनी उद्देजकता मंत्री जयंत चौधरी हांणी सरकार, उद्देग, शिक्षणीक आनी प्रशिक्षण संस्थां मदीं कृत्तीम बुद्धिमतेचे  क्षमता तयार करपाचेर भर दिला.

---------------